मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची भेट घेवन राज्याचे उदरगती विशीं चर्चा केली. गोवा सरकारच्या विवीध उपक्रमांची म्हायती दितना राज्याचे उदरगती विशीं प्रधानमंत्र्यांचें मोलादीक मार्गदर्शन घेतलें, अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यांनी व्टिट करून दिली.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांची भेट घेवचे पयलीं मुखेलमंत्र्यानी संरक्षणमंत्री राजनाथ सिंह आनी पक्षाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष जे. पी. नड्डा हांची भेट घेतली. बुधवारा दिल्लीक गेल्ले मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आयज बिरेस्तारा रातचे राज्यांत परततले अशी म्हायती गोपांनी दिली. केंद्रीय भलायकी मंत्री जे. पी. नड्डा हांचे भेटी वेळार भाजप प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक लेगीत हाजीर आशिल्ले. गोंयचे उदरगती खातीर केंद्राच्या फाटबळा विशीं हांवें प्रधानमंत्र्यांचे उपकार मानले. फुडाराक उदरगतीची गती वाडोवपा खातीर प्रधानमंत्र्यांचें मार्गदर्शनूय घेतलें, अशी म्हायती डॉ. सावंत हांणी ट्वीट करून दिल्या.

संघटना घटमूट करपा वांगडा संघटन पर्वा विशीं राष्ट्रीय अध्यक्ष जे. पी.नड्डा हांचे कडेन चर्चा जाली. बुधवारा मुखेलमंत्र्यांनी दिल्लींत केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह, केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन आनी केंद्रीय पर्यावरण आनी वनमंत्री भुपेंद्र यादव हांची भेट घेवन विवीध विशयांचेर चर्चा केल्ली.

गोंय सरकार कला आनी संस्कृती संचालनालय, संस्कृती भवन, पाटो, पणजे हांचेवतीन गोंय राज्य सांस्कृतिक पुरस्कार, युवा सृजन पुरस्कार, उत्कृश्ट सांस्कृतिक संस्था गोंय राज्य उत्कृश्ट ग्रंथालय आनी उत्कृश्ट ग्रंथालयीन पुरस्कार २०२४-२५ वर्साचो पुरस्कार भेटवण सुवाळो बुधवारा, २५ जानेवारीक सांजे. ४.३० वरांचेर दिनानाथ मंगेशकर सभाघर, कला अकादमी, कांपाल, पणजी-गोंय हांगा जातलो. ह्या कार्यावळीक मुखेल सोयरे म्हूण मुखेलमंत्री दो. प्रमोद सावंत हाजीर आसतले तर खाशेले सोयरे म्हूण नामनेचे चित्रपट अभिनेते तथा दिग्दर्शक महेश कोठारे हाजीर रावतले.

गोंय साबयर सुरक्षीत जावपा खातीर पुलीस प्रशासन, प्रसार माध्यमां तशेंच हेर भागधारकांनी चडांत चड जागृताय करप गरजेची आशिल्ल्याचें मत पुलीस म्हासंचालक अलोक कुमार हांणी उक्तायलें. बुधवारा गोंय श्रमीक पत्रकार संघटणे वतीन आयोजीत सायबर सुरक्षा कार्यशाळेंत ते उलयताले.

ह्या वेळार पुलीस उपम्हानिरिक्षक अजय शर्मा, वर्षा शर्मा, पुलीस अधिक्षक राहूल गुप्ता, पुलीस निरिक्षक दीपक पेडणेंकार हाजीर आशिल्ले.

अलोक कुमार हांणी सांगलें, फाटल्या कांय वर्सांत गोंयांत सायबर गुन्यांव वाडत आसात. सायबर गुन्यांवां वरवीं पुराय देशांत वर्साक 25 हजार कोटी रुपयांची फटवणूक जाता. गोंयांत अशा गुन्यांवां वरवीं दिसाक सादारणपणान लाखांनी रुपयांची फटवणूक जायत आसा.

पुलीस प्रशासन अशे गुन्यांव आटापा हाडपा खातीर यत्न करीत आसा. हे खातीर आमी फाटल्या स म्हयन्यांत खात्या खाला विशेश यत्न सुरू केल्यात. प्रसार माध्यमां आनी हेर भागधारकांनी लेगीत अशे यत्न करचे.

तांणी म्हणलें, सायबर गुन्यांव कशे जातात, फटवणूक कशी करतात, हें कशें टाळचें, कागाळ खंय करची हे विशींची म्हायती गोंयांतल्या निमाण्या नागरिकां मेरेन पावोवप ही आमची मोख आसा. गोंय पुलिसां कडल्यान हे विशीं समाज माध्यमां वा हेर माध्यमांतल्यान जागृताय मोहीम करतात. गोंयांतल्या प्रसारमाध्यमांनी हे खातीर गोंय पुलिसा कडेन वचून एकठांय काम करूंक जाय. अशें जायत जाल्यार हे वर्स सोंपता म्हणसर सायबर सुरक्षीत गोंय ही मोख साध्य करूंक मेळटली.

पुलीस निरिक्षक दीपक पेडणेंकार हांणी सांगलें, सायबर गुन्यांवकार लोकांचो निश्काळजीपणा, हावरटपणा वा भिरांतीचो आदार घेवन गुन्यांव करतात. गुंतवणुकीचें बनावट ॲप, डिजिटल अरेस्ट, सेक्सटॉरशन, समाज माध्यमांचेर बनावट प्रोफायल, नोकरी दिवपाचे फटीचें हांयस, बनावट

रीण ॲप अशा खूबशा पद्दतीन लोकांची फटवणूक सुरू आसा. हे खातीर लोकांनी जागृत रावप गरजेचें आसा. तशेंच आपली वैयक्तीक म्हायती कोणाक दिवची न्हय. आयिल्लो मॅसेज अधिकृतपणान तपासप गरजेचो आसा.

अधिवेशन केंद्रांत 3rd Destination Goa @2025 ह्या टॅगलाइना खाला 'नया भारत - ट्रान्सफॉर्मिंग इंडिया' ह्या विशयाचेर संसद वांगडी (राज्यसभा) श्री सदानंद तनावाडे आनी गोंय सरकाराचे पर्यटन मंत्री श्री रोहन खौन्ते हांणी उक्तावण केलें

सरकारी खात्यां कडल्यान जावपी बरी कामां लोकां मुखार हाडप हो ह्या प्रदर्शनाचो हेतू आसा उक्तावण अधिवेशनांत उलयतना खासदार सदानंद तनावाडे हांणी सांगलें.

उदक, हवा कायद्या खाला आस्थापनां चलोवपाक परवानगी दिवपाक आनी परवान्यांचे नुतनीकरण करपा खातीर गोंय प्रदूशण नियंत्रण मंडळान फाल्या 24 जानेवारी 2025 दिसा सांजेची 2.30 ते 6.00 वरां मेरेन दक्षीण गोंयांत जिल्होधिकारी इमारतीत विशेश शिबीर आयोजीत केला.

आस्थापनांच्या मालकांनी सगळें आवश्यक दाखले घेवन येवचे आनी अर्ज सादर करपाक ह्या सुविधेचो लाव घेवचो.

कृषी भौतिकीच्या वापरा वरवीं शेतीचें रुपांतर करपा खातीर तंत्रीक नवनिर्माणा विशीं दोन दिसांच्या राष्ट्रीय परिसंवादाचें उक्तावण आयज कुंभारजुव्यां मतदारसंघाचे आमदार राजेश फळदेसाय हांणी केलें. फळदेसाय हांणी कृशी संशोधनांतल्या वावराची आनी हाजीर आशिल्ल्या शास्त्रज्ञांची तोखणाय केली. गोंयासारक्या दर्यादेगेवेले वाठार, जाचे भौगोलिक क्षेत्रफळ १०% आसा तो वाठार लगींलागीं १६% लोकसंख्या आनी २०% पशुधनाक आदार दिता. देखून दर्यादेगेवेल्या शेतवडींत जावपी संशोधनाक चड म्हत्व आसा.

हे कार्यावळीक आयसीएआरचे संचालक परवीन कुमार, रानी लक्ष्मी बाई केंद्रीय शेतकी विद्यापिठाचे कुलगुरू ए.के.सिंह, इंडियन सोसायटी ऑफ एग्रो फिजिक्साचे अध्यक्ष डॉ.वाय.एस.शिवाय, आयएसएपीचे सचीव डॉ प्रगति मैती आनी डॉ.गोपाल महाजन हाजीर आशिल्ले. ह्या संदर्भात उलयतना इंडियन काउन्सिल ऑफ एग्रीकल्चरल रिसर्चचे उपमहासंचालक एस के चौधरी हांणी उलयतना सांगलें की

दक्षीण गोंय जिल्लोधिकाऱ्यान एका आदेशावरवीं दक्षीण गोंय वाठारांतल्या सगळ्यां हॉटेलांचे मालक/वेवस्थापन, लॉजिंग-बोर्डिंग, खाजगी गॅस्ट हाऊसीस, पेईंग गेस्ट हाऊसीस, घर, इमारत, फ्लॅट मालक, तात्पुरती निवासाची वेवस्था करपी घरमालक आनी धार्मिक संस्थांनी आपल्या कडेन येवपी गिरायकांची वळख पटोवपा खातीर गिरायकाकडेन मतदार कार्ड, वाहन चलोवपाचो परवानो, स्मार्ट कार्ड,

आधार कार्ड, पासपोर्ट ह्या सारख्या वळखपत्राची मागणी करपाक सागला. वळख पटयल्या बगर गिरायकांक आपल्या हॉटेलात वा घरांत रावपाक दिवचे न्हय.

तशेंच मालकांनी आपली गिरायकां आनी भाडेकारांची म्हायती पुलीस खात्यान तयार केल्ल्या पथीक-PATHIK ह्या सॉफ्टवेरांत नोंद करपाक जाय. भाडेकारांची म्हायती लागीच्या पुलीस स्टेशनार दिवपाची गरज आसा. मालकांनी आपली गिरायकां आनी भाडेकारांची म्हायती सांबाळून दवरची आनी गरज आसता तेन्ना अशी म्हायती पुलीस यंत्रणेक उपलब्ध करची.

तशेंच दक्षीण गोंयांतल्या सगळ्या राष्ट्रीयकृत बँकाच्या प्रमुखांनी आपल्या एटीएमांनी सुरक्षा रक्षक नेमपाक आनी सीसीटव्ही कॅमेरे लावपाक सांगला.

नवी दिल्लीत 26 जानेवारी 2025 दिसा कर्तव्यपथार प्रजासत्ताक दीस संचलनाच्या सांस्कृतीक मिरवणूकीत गोंयचो चित्ररथ प्रदर्शीत करतले. नवी दिल्लीत प्रजासत्ताक दीस संचलनात गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन गोंयच्या चित्ररथाचे प्रदर्शन जातले.

स्वर्णिम भारत, विरासत और विकास म्हळ्यार सुवर्ण भारत, वारसो आनी विकास, ह्या संकल्पने वयल्या गोंयच्या चित्ररथा वरवीं राज्याचो सांस्कृतीक वारसो आनी प्रगतीचे दर्शन घडोवपात येतले. गोंयच‍ो चित्ररथ तयार करपाचे काम नवी दिल्लीच्या राष्ट्रीय रंगशाळा शिबीरात लागी लागी पुर्ण जाल्ले आसून कुशळ कारांगिरांचो पंगड चित्ररथ तयार करपाचे काम करतात. ह्या पंगडात चित्रकार, सुतार, पेंटर, फॅब्रिकेटर आनी हेरांचो आसपाव आसा. राजपथार 23 जानेवारीक चित्ररथांची रंगीत तालीम जाली. गोंयच्या चित्ररथावांगडा राज्याच्या वेगवेगळ्या वाठरांतले लोककलाकांर सहभागी जातले.

राज्य सरकारान गोंयचो चित्ररथ प्रदर्शीत करपाखातीर वारखंडे फोंडेचे श्री. सुशांत खेडेकर हांच्या चित्ररथ आराखड्याची निवड करून नवी दिल्लीक संरक्षण मंत्रालयाक धाडिल्लो आनी मंत्रालयाच्या तज्ञ समितीन ह्या आराखड्याची निवड केल्ली आसा.ह्या वर्सा ह्या चित्ररथा खातीर संगीत डॉ. साईश देशपांडे हांणी दिलां. दिनेश प्रियोळकार हांच्या फुडारपणा खाला लायव्ह डान्स सादर करतले. नृत्यदिग्दर्शन निषाद हांणी केलां. वेशभुशा संगीता आनी अवनी खेडेकार हांणी केल्या.

कर्तव्यपथा वयल्या संचलना उपरांत 26 ते 31 जानेवारी ह्या काळांत भारत पर्व सुवाळ्याचो एक भाग म्हूण हेर सहभागी राज्यांसयत गोंयचो चित्ररथ लाल किल्ल्याचेर प्रदर्शीत करतले. ह्या काळांत संबंदीत राज्यांतल्या कलाकारांची सांस्कृतीक कार्यावळ जातली.